# कर्तव्य पथार वंदे भारतम् कार्यक्रमाचे सादरीकरण

## ऑनलाईन प्रवेशीका धाडपाची विनंती

**ता. 22 ऑक्टोबर 2022**

भारत सरकाराच्या सांस्कृतिक मंत्रालयावतीन 26 जानेवारी 2023 दिसा प्रजासत्ताक दिसानिमतान नवी दिल्लीच्या कर्तव्य पथार वंदे भारतम् सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करपात येतलो. वंदे भारतम् सांस्कृतिक कार्यक्रमात "नारी शक्ती" ह्या संकल्पनेचेर आदारीत सांस्कृतिक कार्यक्रमांचे सादरीकरण करपात येतले.

उत्तर मध्य विभाग सांस्कृतिक केंद्र, प्रयागराज हांची कार्यक्रम आयोजनाखातीर नोडल एजन्सी म्हूण नेमणूक केल्या आनी सुमार 500 कलाकारांसयत कार्यक्रम सादर करपात येतलो, जांची निवड राज्य, विभागीय आनी राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या सर्तीतल्यान करपात येतली.

लोककला /आदिवासी कला, शास्त्रीय कला संस्कृती आनी समकालीन/फ्यूजन प्रकारात 17-30 पिराय गटातल्या कलाकारांकडल्यान प्रवेशिका मागोवपात येतल्यो. वैयक्तिक अर्जदार आनी 2 ते 10 कलाकारांचो आस्पाव आशिल्ल्या पंगडानी 3 मिनटांच्या सादरीकरणाचो व्हिडिओ सुपूर्द करपाक शकतात. MyGov.in च्या भागीदारीन ही सर्त जातली. प्रवेशीकां https://www.mygov.in/task/vande-bharatam-nritya-utsav-2023/ चेर धाडपाक जाय. विभागीय पांवड्यावयल्यो सर्ती जयपूर हांगा पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांच्या समन्वयान जतल्यो. राष्ट्रीय पांवड्यावयली अंतिम फेरी 18 डिसेंबर 2022 दिसा नवी दिल्ली हांगा जातली. 17 ते 30 पिराय गटातले स्पर्धक आपल्यो प्रवेशीका 15 ऑक्टोबर ते नोंव्हेंबर 2022 मेरेन धाडपाक शकता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/658

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji